12.02.2026 सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र

प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 विशीं राज्यसभेंत आयज परतून चर्चा सुरू जातली.
- लोकसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीचेर राष्ट्रीय सुरक्षेच्या मुद्द्यांचो वापर सभागृहात राजकीय हत्यार म्हणून करत आशिल्यायो आरोप संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी केला.
- लोकसभा सभापती ओम बिर्लाक काडून उडोवपाची मागणी करपी काँग्रेसीच्या फुडारपणा खाला विरोधी पक्षांनी दिल्ले अविस्वास प्रस्तावाची नोटीस अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या दुसऱ्या टप्प्यांत विचारांत घेतले.
- देशांत घटमूट मुळावी बांदावळ उबारपा खातीर तशेच, कामगार प्रधान क्षेत्र आनी एमएसएमई हांचेर लक्ष केंद्रीत करून रोजगाराची संद निर्माण करपाक आनी उदरगत वाडोवपाक सरकार व्हड यत्न करता हाचेर अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी भर दिला.
- केंद्रीय ग्रामीण विकास, कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री  शिवराज सिंह चौहान हाणी २०२६-२७ चो केंद्रीय अर्थसंकल्प इतिहासिक आणि भविष्यकालीन असल्याचे वर्णन केले आणि देश तसेच ईशान्येकडच्या प्रदेशात तो महत्वपूर्ण बदल घडोवन हाडटलो अशे म्हळे.
- केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ (सीबीएसई) अंदू वर्सा सावन बाराविच्या उत्तर पत्रिकाचें मुल्यांकन करपा खातीर ऑन स्क्रीन मार्किंग (ओएसएम) सुरू करतले. पूण धावेच्या उत्तरपत्रिकांचे मुल्यांकन आदल्या प्रमाण फिजीकल मोडांत चालू उरतलें.
- आयसीसी दादल्यांच्या  टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जाल्ल्या गट सीमॅचांत वेस्ट इंडीजान इंग्लंडाक 30 धांवड्यांनी हारयले.

केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 विशीं राज्यसभेंत आयज परतून चर्चा सुरू जातली. केंद्रीय अर्थसंकल्पाचेर जावपी सामान्य वादविवादाक अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण जाप दिवपाची शक्यताय आसा. काल लोकसभेंत ताणी अर्थवेवस्थेची घटमूटताय आनी वाडीखातीर  फुडल्या वर्सां खातीर सरकाराची नदर हांचेर भर दिलो. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचे पयलो पावंडो 28 जानेवारी सावन सुरू जालो आनी फाल्यां मेरेन चालू आसतलो. सुटये उपरांत दुसरो टप्पो अंदू 9 मार्च ते 2 एप्रील मेरेन जातलो.

लोकसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीचेर राष्ट्रीय सुरक्षेच्या मुद्द्यांचो वापर सभागृहात राजकीय हत्यार म्हणून करत आशिल्याचो आरोप संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी केला. राष्ट्रीय सुरक्षा ही देशाखातीर अत्यंत महत्त्वाची बाब आसा आणि राजकीय फायद्याखातीर अशा मुद्द्यांर चर्चा करण्यापासत गांधीन पयस रावचे अशे आवाहन केला. Byte

लोकसभा सभापतींक काडपाच्या सूचनेर भाष्य करतान रिजिजू हाणी म्हणाले की, अशो बाबी हाताळपाक सभागृहात सुस्थापित निकष आणि प्रक्रिया आसात. या संदर्भात काँग्रेस खासदारांच्या कृतीन सभापती कार्यालयाची प्रतिष्ठा कमी जाली. नियम आणि कायदे न पाळप हे खूप धोकादायक आसा. सभागृहाचे विरोधी पक्षफुडारी म्हणून गांधी यांची सभागृहाची शिष्टाचार राखपाची जबाबदारी आसा अशे संसदेच्या परिसरात माध्यमाकडे उलयताना ताणी म्हणाले. Byte

लोकसभा सभापती ओम बिर्लाक काडून उडोवपाची मागणी करपी काँग्रेसीच्या फुडारपणा खाला विरोधी पक्षांनी दिल्ले अविस्वास प्रस्तावाची नोटीस अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या दुसऱ्या टप्प्यांत विचारांत घेतले. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो टप्पो 9 मार्चा सावन सुरू जावपाचो आसा आनी तो 2 एप्रील मेरेन चालू आसतलो.

लोकसभा सचिवालयान अविस्वास प्रस्तावाच्या नोटीसेंत कांय उणाव वळखून घेतल्यात. लोकसभेच्या सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण नोटीसेंत विरोधी पक्षांनी फाटल्या वर्सा फेब्रुवारींत घडिल्ल्या चार घडणुकां विशीं संदर्भ दिल्ले आनी ताच्या आदाराचेर नेमा खाला ही नोटीस न्हयकारूं येताली. पूण सभापती ओमबिर्लान सचिवालयाक नोटीसेतले उणाव सुदारून स्थापन केल्ल्या कार्यपद्दती प्रमाण फुडें वचपाचे निर्देश दिल्यात. तशेंच नेमा प्रमाण ह्या प्रकरणांत बेगोबेग कारवाय करपाचो आदेश दिला.

केंद्रीय ग्रामीण विकास, कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान यांनी २०२६-२७ चो केंद्रीय अर्थसंकल्प इतिहासिक आणि भविष्यकालीन असल्याचे वर्णन केले आणि देश तसेच ईशान्येकडच्या प्रदेशात तो महत्त्वपूर्ण बदल घडोवन हाडटलो अशे म्हळे. आज गुवाहाटीत माध्यमाकडे उलयताना ताणी म्हणाले की, केंद्रीय अर्थसंकल्पात आसाम आणि पूराय ईशान्येकडच्या राज्यांक एक प्रमुख विकास इंजिन करपाच्या उद्देशान विक्रमी आर्थिक तरतूद केल्या. केंद्रीय मंत्र्यांनी मुखार सांगले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आसाम आणि हेर ईशान्येकडच्या राज्यांच्या विकासाक प्राधान्य दिल्या आसामात महत्त्वाच्या आणि दुर्मिळ खनिजां खातीर एक कॉरिडॉर विकसित करतलो.. Byte

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ (सीबीएसई) अंदू वर्सा सावन बाराविच्या उत्तर पत्रिकाचें मुल्यांकन करपा खातीर ऑन स्क्रीन मार्किंग (ओएसएम) सुरू करतले. पूण धावेच्या उत्तरपत्रिकांचे मुल्यांकन आदल्या प्रमाण फिजीकल मोडांत चालू उरतलें. कार्यक्षमताय आनी पारदर्शकता वाडोवपाच्या सेगीत यत्नांत मंडळान अंदूच्या परिक्षेंतल्यान 12वीच्या वर्गाच्या उत्तरपत्रिकांचें मुल्यांकन करपा खातीर

ऑन स्क्रीन मार्किंग (ओएसएम) सुरू करपाचो निर्णय घेतला अशें सीबीएसईचे परिक्षा नियंत्रक संन्यम भारद्वाज हांणी सांगलें. हे चालीक लागून समन्वय सुदारतलो आनी हाताळणी हस्तक्षेप उणो जातलो, तशेंच जोडप आनी वजा करपाच्यो चुको जावच्यो ना अशें श्री भारद्वाज हांणी स्पश्ट केलें. सीबीएसई भारतांत आनी 26 देशांनी वर्साक 10वी आनी 12 वी मंडळ परिक्षा घेता, ताचो फायदो सुमार 46 लाख विद्यार्थ्यांक जाता.

देशांत घटमूट मुळावी बांदावळ उबारपा खातीर तशेच, कामगार प्रधान क्षेत्र आनी एमएसएमई हांचेर लक्ष केंद्रीत करून रोजगाराची संद निर्माण करपाक आनी उदरगत वाडोवपाक सरकार व्हड यत्न करता हाचेर अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी भर दिला. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 विशीं जाल्ले वादविवादाक जाप दितना काल सांजवेळा लोकसभेंत त्यो उलयताल्यो. अंदूच्या अर्थसंकल्पांत भौशीक भांडवल खर्चा खातीर 12 लाख कोटी रुपयां वयर तजवीज केल्या, जी जीडीपीच्या 3.1 टक्के आनी 2025-26 वर्साच्या सुदारीत अदमासा परस 11.5 टक्के चड आसा अशें सीतारामन हांणी सांगलें. हे पयशे देशाची मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर खर्च जातले हाचेर तिणें भर दिलो. पांच प्रादेशिक वैजकी केंद्रां वरवीं देशांतल्या वैजकी पर्यटनाक चालना मेळटली अशे अर्थसंकल्पांत रोजगार निर्मितीचेर सगले ओगी आसा अश्या विरोधकांनी केल्ल्या आरोपांचे खंडन करतना अर्थमंत्र्यानी म्हणलें. एनिमेशन, व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमींग आनी कॉमिक्स (एव्हीजीसी) क्षेत्रांतल्यानय येवपी काळांत देशांत रोजगाराची संद निर्माण जातली अशें तिणें सांगलें. तशेंच राज्यांक कर वांटप उणें केल्ल्यान विरोधकांनी केल्ल्या आरोपांक न्हयकार दिलो आनी अंदू 25 लाख कोटी परस चड रुपया राज्यांक हस्तांतरीत करतले अशें ताणी सांगलें. मोदी सरकार देशाच्या हितांत वावुरता अशें तिणें सांगलें.

आयसीसी दादल्यांच्या  टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जाल्ल्या गट सीमॅचांत वेस्ट इंडीजान इंग्लंडाक 30 धांवड्यांनी हारयले. दुसरे मॅचींत काल कोलंबोंत जाल्ले गट बी मॅचींत ऑस्ट्रेलियेन आयर्लंडाक 67 धांवड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करपी ऑस्ट्रेलियेन 20 ओव्हरींनी 6 विकेटी वगडावन 182 धांवड्यो केल्यो.

उपरांत आयर्लंडान 16.5 ओव्हरींनी 115 धांवड्यो केल्यो. अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत जाल्ले तिसरे मॅचींत  रोमांचक डबल सुपर ओव्हर सर्तींत दक्षिण आफ्रिकेन अफगाणिस्तानाचेर मात केली.